**Aakashvani Panaji**

**National Bulletin**

**6.30 pm** **19th October 2025**

## Ayodhya

उत्तर प्रदेशांत आयज दिवाळेच्या आदल्या दिसा अयोध्या भव्य दीपोत्सव करपाची आसा. राम की पैदि सयत अयोध्याच्या 56 घाटांचेर आयज 26 लाखां परस चड दिवे पेटोवन युपी सरकार गिनीज वर्ल्ड रेकॉर्ड करपाची मोख दवरता . अंदूं आनीक एक संवसारीक विक्रम करपाचो यत्न जातलो, तातूंत 2,100 वेदाचार्य सरयू न्हंयचे देगेर महाआरती आनी श्लोक म्हणटले. राज्यपाल आनंदीबेन पटेल, मुखेलमंत्री योगी आदित्यनाथ आनी हेर जायते मंत्री हजर रावन ह्या कार्यावळीची सोबीतकाय वाड्यतले. दीपोतसव उत्सवाचो एक भाग म्हूण आयज सकाळीं अयोध्यान अध्यात्म, संस्कृताय, परंपरेचो जीवंत संलयन दिसलो. साकेत महाविद्यालयांतल्यान सुरू जाल्ले शोभायात्रांत रामायणाच्या सात अध्यायांचेर आदारिल्ले कोश्टक दाखयल्ले. शोभा यात्रा मार्गाचेर वेगवेगळया राज्यांतल्या कलाकारांनी सांस्कृतीक सादरीकरण केलें. राम की पैडी सयत 56 घाटांचेर 26 लाखां वयर दियांचो उजवाड सांजवेळार सुरू जालो. गिनीज बुक पंगड ड्रोन वापरून ही गणना सत्यापीत करतले. मुखेलमंत्री योगी आदित्यनाथ हांणी आयज अयोध्यांतल्या 'इतिहासीक' दीपोत्सवांत सोशल मिडिया पोस्टा वरवीं सगळयांक वांटो घेवपाक आपयलो. तशेंच सांजवेळार लेसर आनी ड्रोन शो घडोवन हाडले. सुमार 1100 'स्वदेशी' ड्रोन रामायणाच्यो प्रतिमा मळबांत प्रक्षेपित करतले. सुटसुटीत कार्यावळी खातीर उच्च सुरक्षा वेवस्था केल्या.

## Gst Nirmala

सुदारीत जीएसटीचो फायदो निमाण्या गिरायकां मेरेन पावता हाची खात्री करपा खातीर अर्थ मंत्रालय 54 उत्पादनांच्या दरांचेर बारीकसाणेन नदर दवरता अशें केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी सांगलें. काल नवी दिल्लींत जीएसटी बचात उत्सवा विशीं म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव आनी वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांचे वांगडा संयुक्त पत्रकार परिशदेंत त्यो उलयताली.

## Bihar election

वेंचणूक पारदर्शक, मुक्त आनी नितळसाण चलची हे खातीर बिहारांतली पुराय वेंचणूक प्रक्रिया आनी हेर राज्यांतल्या 8 विधानसभा मतदारसंघांतल्या उपवेंचणुकांचेर बारीकसाणेन नदर दवरची अशें वेंचणूक आयोगान केंद्रीय निरिक्षकांक सांगलां. बिहारांत जावपी विधानसभा वेंचणुके खातीर पयल्या पांवड्या खातीर 121 सामान्य निरिक्षक आनी 18 पुलीस निरिक्षक आनी दुसऱ्या पांवड्या खातीर 20 पुलीस निरिक्षक हांचे वांगडा 122 सामान्य निरिक्षक नेमल्यात अशें आयोगान निवेदनांत म्हणलां. ते भायर उपवेंचणुके खातीर 8 जनरल आनी 8 पुलीस निरिक्षकांचीय नेमणूक केल्या. निरिक्षकांक तांचीं कागाळीं सोडोवपा खातीर राजकी पक्ष, उमेदवार, मतदार हांचे कडेन पुरायपणान सुलभ रावपाची सुचोवणी दिल्या. तशेंच निरिक्षकांक मतदान केंद्रांक भेट दिवपाची सुचोवणी दिल्या, आनी मतदारांच्या सोयी खातीर आयोगान घेतिल्ल्या उपक्रमांची अंमलबजावणी करपाची सुचोवणी दिल्या.

रेल्वे जम्मू

भारतीय रेल्वे विभागाच्या जम्मू विभागान तिकीट तपासपाची खर  मोहीम हातांत घेतली. तातूंत 673 प्रवाशांक ख्यास्त दिली  आनी वट्ट पांच लाख रुपया दंड वसूल केलो. ह्या कारवायेंत जम्मू, पठानकोट कँट, पठानकोट सिटी, कटरा, श्रीनगर, बुडगाम ह्या सारक्या म्हत्वाच्या स्टेशनांचो आस्पाव जालो.  आनी विभागा खातीर एकाच दिसा सगळयांत चड पांच लाख रुपया दंडाची वसुली जाली. वरिश्ठ विभागीय वेपारी वेवस्थापक उचित सिंघल हांणी प्रवाशांनी तिकीट बुक करपा खातीर एम-यूटीएस आनी रेलवन ॲप वापरपाचो उलो मारलो.

RAILWAY-

भारतीय रेल्वेन देशभरांत शेंकड्यांनी खाशेल्यो गाडयो सुरू केल्यात. उत्तर प्रदेश आनी बिहारांतल्या गंतव्यांचेर प्रवाशांची चड मागणी आशिल्ल्याची म्हायती मेळ्ळया तमिळनाडू राज्य येरादारी म्हामंडळान 20 हजारां वयर खाशेल्यो बशी सुरू केल्यात, तरी लेगीत मुखेल बस टर्मिनल आनी रेल्वे स्टेशनां खचाखच भरून उरल्यात.

CNRT –

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोंकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेंच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 oct आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.

IMD

भारतीय  हवामान खात्यान फुडल्या दोन दिसांत केरळ, माहे, आनी लक्षद्वीपात  उटानगराचो  पावस पडपाचो  अदमास उक्तायला आनी orange अलर्ट जारी केला .

SPORTS

दादल्यांच्या क्रिकेटांत ऑस्ट्रेलियेन भारताक 7 विकेटींनी हारयलो . हे मालिकेची दुसरी मॅच 23 ऑक्टोबराक एडिलेडांत जातली.